Panaji regional news 08.08.2025, 7.20pm

## गोंयचें राज्यपाल

गोंयचें राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी आयज पणजी शारांतल्या आझाद मैदानाक भेट दिली आनी आझाद मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र अर्पण करून गोंय मुक्ती चळवळीतल्या हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.गोंय पुलीसांनी राज्यपालांक सलामी दिली. पुलीस म्हासंचालक श्री. आलोक कुमार आनी हेर वरिश्ठ सरकारी अधिकारी राज्यपालांच्या भेटी वेळार हजर आशिल्लें.सुटके झुजाऱ्यांक आदरांजली ओपपाखातीर आपणे आझाद मैदानाक भेट दिल्या. गोंयांत आपल्याक खुप बरें आनी समाधानकारक दिसता, अशें राज्यपालान सांगलें.

## भंगारअड्डे

रहिवासी, वा शेतानी, सैम संवेदनशील वाठारा तशेंच उदका स्त्रोताच्या वाठारा कुशीक आशिल्या भंगाडअड्याक सरकारा गोंय उद्देगिक वसणुकेत स्थलांतारीत करचे अशी मागणी आयज आमदार विजय सरेदसाय हांणी खासगी थारावावरवी केली. गोंयांत सुमार 1हजारावयर भंगारअड्डे आसाता, मात हातुल्ले फकत 269 भंगारअड्डे सराकराकडे नोंदणीकृत आसात. जाल्यार सुमार 800 भंगारअड्डे बेकायदेशीरपणान चलतात मागीर सरकार असा भंगारअड्याचेंर कारवाय कित्याक करीना काय असोय प्रस्न तांणी ह्यावेळार केलो. सगळयात चड भंगारअड्डे बार्देश तालुक्यात आसाय सीय म्हायती ह्यावेळार विजय सरदेसाय हांणी सभाघराक दिली.कायं भंगारअड्डे हानीकारीक रसायना थेट सा वाठारांनी सोडटा, हाका लागुन लोकांच्या भलायेकेचेर परीमाम जाता, तशेचं काय जाण उजो पालोवपाची यंत्रमा, वा हेर अत्यावश्यक यंत्रमा दवरीनात, ताका लागुन असा भंगार अड्याक उजो पेटपाच्यो घडणुक्योय ह्यानपयली जाल्यात अशे विजयान म्हणला. जाल्यार आमदार विरेश बोरकार हांणी ह्या भंगारअडयांनी काम करपी बिगर गोंयकार , तंची नोंदणी जायना , ताका लागुन राजज्यात घडपी कांय गुन्ह्यांवानी ते घुसपिलले आसतात अशे दिसुन आयिल्लयाचे तांणी म्हणला. , आमदार मायकल लोबो हांमी शेतांनी भंगारअडडे नाका सी मागमी ह्यावेळार केल्या. वेन्झी विएगश हंणी सञ्चे बंगाराचो विल्हो रिसतर आय.डी.सी.नी जावपाक लाय अशे म्हणले.ह्यावेळार कोयर वेवस्थापन मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांणी असा भंगारअड्याक स्थलांतरीक करपाखातीर सुवात सोदप सुरु आसा

अशे म्हणला. जाल्यार फुडल्या म्हयन्याभितर  दर्यादिग  वाठारातल्या 8 तालुक्याच्या आमदारांकडे बसाक घेवन पयल्या पवंड्याचेरं ह्या  वाठारातल्या भंगारअड्याचो प्रस्न सुटावो करता अशे म्हणला. जाल्यार  मुखएलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी फुडल्या 6 म्हयन्याभितर भंगारअड्याचो हो प्रस्न सुटावो करता अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

## अनधिकृत बांदकाम (दुरुस्ती) विधेयक, 2025

अनधिकृत बांदकामांक नियमित करपाचो हेतू आशिल्लें अनधिकृत बांदकाम (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 गोंय विधानसभेन आयज संमत केलें. जाल्यार अशी घरा कायदेशीर करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान म्हजी घर येवजण चालीक लावपाचो निर्णय घेतला.

ह्यावेळार विरोधकांनी ह्या विधेयकाक विरोध करीत सभापतीच्या आसनामुखार वचुन बोवाळ घालो. फुडले वेंचणुके राजकी सुवार्थाच्या हेतान हें विधेयक  सरकारान मांडलां असो आरोप विरोधकांनी केला. जाल्यार मनीसपणाच्या नदरेतल्यान आनी समाजीक-आर्थीक उपाय म्हणून बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ले अनाधिकृत घराचो प्रस्न सुटावे करपाच्या हेतान हे विधेयक सरकारान हाडला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला, अनधिकृत बांदकामांचें नियमित

करपाच्या ह्या विधेयकांत अनधिकृत बांदकामाचें नियमितीकरण कायदो, 2016 च्या कलम 3 त दुरुस्ती केल्या. ह्यानआदीं अर्ज करपाक मेळूंक नाशिल्ल्या वा कांय कारणांक लागून अर्ज न्हयकारलेले व्यक्तीं खातीर दोन वर्सांभीतर घर कियदेशीराकरपाखितीर अर्ज करपाची मुजत सरकार दीतले.गांव पंचायत वाठारांनी 500 चौखण मिटर मेरेन आनी नगरपालिका वा म्हामंडळा खाला आशिल्ल्या वाठारांनी 600 चौखण मिटर मेरेन नियमित करपाक परवानगी सरकार दीतली.

## खादी ग्राम उद्देग

खादी ग्राम उद्देग मंडळवरवी राज्यातल्या 12500 नागरीकांनी वेगेवगळ्या येवजण्यांचो लाव घेतला, तशेच  ताका हांतुल्लयान रोजगार तशेच स्वच्छतचो वेवसाय करपाची संद मेळ्ळया असी म्हायती गोंय खादी  ग्राम उद्देग मंडळाचे अध्यक्ष आंन्तोन वाझ हांणी  दिल्या. गोंय खादी ग्राम उद्देग  मंडळावतीन 9 – 11 ऑगस्ट ह्या काळात मडगांवा रवीद्र भवनात खादीच्या वस्तुचे विक्रीचे प्रदर्शन आयोजित केला अशी म्हायती तांणी पर्वरे  विधानसभा

संकुलाच्या सभाघरात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या. ह्या प्रदर्शनाचे उक्तावण शएनवारा सकाळी 10:30 वराचेंर जातले. जाल्यार ह्या प्रदर्शनात 45-50 खादी , तशेच हस्तकला आनी हेर साहित्य विकपी दालना आसतली अशे तांणी सागंले गोंयच्या हस्ताकरागिरांक ,तशेंच खादी कपड्याक उर्बा दिवापक तशेच मार्केट दिवपाच्या हेतान, तशेच स्वदेशी वस्तुंचो उपयोग करपाच्या हेतान ह्या प्रदर्शनाचे आयोजन मंडळ करता अशे तांणी सांगले. ह्यावेळार मंडळाचे उपाध्यक्ष सर्वानंन्द भगत हाजीर आशिल्ले.खादी ग्राम उद्देगाचे राज्यात 3-4 नवीन केंद्रा स्थापन करपाचो विचारआसा, काम फुडल्या 6-8 म्हयन्याभितर जातले अशी म्हायती सर्वानंद भगत हांणी दिल्या.Vocal for local ह्या संकल्पनेक चलना दिवपाच्या हेतान खादी ग्राम उद्देग काम करता . ह्या मंडलावरवी सर्वसामान्य गटाखातीर जर खंयचो प्रकल्प उबारपाक जाय जाल्यार शारी भागात हो प्रकल्पाचेर 15 टक्के आनी ग्रामीण भागात आसत जाल्यार 25 टक्के अतिरीक्त सवलत सरकार दिता. जाल्यार अनुसुचित जमाती, अनुसुचित जाती, आनी ओबीसी,बायला, निवृत्त सैनिक, दिव्यांग व्यक्ती गटाखातीर शारी वाठारात प्रकल्प उबारपाखातीर 25 टक्के आनी गावगिऱ्या वाठारात हो प्रकल्प उबारता जाल्यार 35 टक्के सवलत दिता अशी म्हायती मंडळान दिल्या. गोंयकारांनी ह्या येवजम्याचो लाव घेवचो अशे आवाहन ह्यावेळार कादी ग्राम उददेग मंडलाचे अद्यक्ष आंन्तोन वाढ हांणी केला.

हळर्णकर

नुस्तेंमारी मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर फाल्या तारीख 9 ऑगस्ट दिसा नारळी पुनवेच्या म्हुर्तार सकाळी 10.00 वराचेर पणजे नुस्तेंमारी खात्यालागीच्या नुस्तेंमारी जेटीचेर समुद्र पूजा करतले.

जेटी शेळवण

कुडचडे मतदारसंघातल्या ओडार आनी शेळवण वाठारात येवपी लोडींग आनी अनलोडींग जेटीक गोंय दर्यादेग वेवस्थापनपन प्राधिकारणान परवानो दिल्याखातीर आयज सभाघरात बोवाळ जालो. आमदार निलेश काब्राल हांणी गोंय दर्यादेग वेवस्थापनपन प्राधिकारणान हया प्रकल्पाक परवानो दिवच्यापयली थळाव्या पंचायतींक विस्वासान घेवंक ना असो आरोप केलो. ह्या प्रकल्पाक तळाव्या पंचायतीन नागरीकांनी आनी पंचायतीनी विरोध केल्या उपरांत लेगीत परवानो कसो दिलो असो प्रस्न तांणी पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्केरा हांकां केल्लो. ज्या वाठारात हो प्रकल्प प्रस्तावित आसा तो जैवविविधतय संवेदनशील

वाठार जांवन आसा, जाल्यार पर्यावरण परीणाम विश्लेशण अहवाल ज्या कंपनीनी केलो तो चुकीचो करपी कंपनीकचेंर लेगीत करवाय जावची. केंद्र सरकाराच्या पर्यावरण मंत्रालयाकडे एम्पेनेल आशिल्ली ह्या कंपनीक एम्पेलमेन्ट वळएरीतल्यान राडुन उडोवचे अशी मागणी ह्यावेळार निलेश काब्राल

हांणी केल्या.ह्या प्रकल्पाक पर्यावरण खात्याच्या State Climate Action Cell कांय हरकती काडल्यात. ह्या हरकतींक जाप दिवपाक ३० दिसाची मुजत प्रकल्प बांधपी जाळवणदारांक दिल्ली. हातुलले १५ दिस आता उरल्यात. जर ह्या हरकतींक सप्श्टीकरण दिवपाक प्रकल्पाच्या जाळवणदाराकं जमले ना जाल्यार प्रकल्प रद्द करतले. State Climate Action Cell ची बसका ह्या ना जाल्यार फुडल्या सप्तकात जातली. अशी म्हायती सभाघराक दिला. सैमाक इबाडपी, तशेच थळाव्या लोकांक जर हो प्रकल्प नाका जाल्यार संबंधित प्रकल्पाक सरकार मान्यताय दिवचे ना अशे मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी म्हणला.इतलेमजगती आमदार विजय सरदेसाय हांणी ह्या जेटीवेल्यान कोळश्याची येरादारी करपाची आसा अशी भिरांत थळाव्या

नागरीकांनी उक्तायला अशे आमदार विजय सरेदसाय हांमी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी ह्या जेटीवेलयान कोळश्याची येरादारी वा स्टोरेज जावचे ना अशे आस्वासन दिला.

beach sport destination

गोंयांत beach sport destination जावपाची तांक आसा, मात ताचेखातीर सरकारान गोंयच्या दर्यादिगांचेर अश्या खेळांचे आयोजन करपाची गरज आसा अशे आमदार जीत आरोलकार हांणी म्हणला. लक्षवेधी सुचनेवेळार जीत हांणी गोंयच्या दर्यादिगांचेंर अशा खेळांचे आयोजन करीत जाल्यार आंरराश्ट्रीय पावंड्यावेले पर्यटक व्हडा प्रमाणात गोंयांकडे आकर्शित जातले, तशेचं गोंयची sports destination म्हण संसारभर फामाद जातले अशे मत तांणी ह्यावेलरा व्यक्त केला. गोंयांत दर्यादिगांचेंर पर्यटक येताता आनी शीण भागयल्या उपरांत परत घरची वाट धरता. ह्यापरस कार्नावल , वा गोयचे हेर फामाद सण, वा महोत्सवा आसतना अशा beach sports पर्यटन कॅलेण्डराचेंर घालुन

वर्सुकी अशे खेळा सर्ती आयोजित करपाच्या नदरेतल्यान सराकरान काम करपाची गरज आसा अशे मत जीत आरोलकार हांणी व्यक् तकेला.तामिळनाडु, आंध्र प्रदेश, अशा राज्यानी हे खेळ विकती रेव हाडुन आयोजित करताता इटली , स्पेन हांगा असा खेळांचे आयोजन जाता. गोंय हे आंतरराश्ट्रीय पर्यटन थंळ ,तशेंच दर्यादिग आशिल्ले राज्य. मागीर सैमान दिल्लया ह्या बाबीचो योगेय उपेग करपाखातीर गोंय पर्यटन खाते, तशेंच खेळा खात्यान काम करचे अशी मागणी जीत आरोलकार हंणी ह्या लक्षवेध सुचनेतल्यान केल्या. ह्यावेळार ह्या लक्षवेध सुचोवणेक आमदार वेन्झी विएगश , विरेश बोरकार, डिलायला लोबो विजय सरदेसाय. दिगंबर कामत, आनी रेजिनाल्ड लोरेन्स हांणी तेको दिला.Beach volleyball, beach cricket, kayaking competition, तशएच हेर खेळांचे गोंयच्या दर्यादिगांचेर आयोजन करचे शी सुचोवमी ह्यावेळार सभाघरातल्या वांगड्यांनी केल्या. जाल्यार उत्तर आनी दक्षीण गोंयांत अशा खेळांखातीर खासा बीच नोटीफाय करचो अशी मागणी ह्यावेळार आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेन्स हांणी केला.